राजश्री कामत      प्रादेशिक खबरो      २३.०७.२०२५ @ ७.20 pm

.. rent a car परवानो दीता म्हण सांगुन पयशे लाटप्याचेर सरकार खर कारवाय करतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगला.

.. जीसीएक दिलया सुवातेचेर जर मैदान बांधपाचे ना जाल्यार जीसीएक दुसरे कडेन ताच्या मालकीच्या सुवातीर हे बांधचे, अशे मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगला

.. १५ वर्सांची सेवा दिले होम गार्ड उपरांत थेट पुलिशेच्या नोकरीक उमेदावार म्हण पात्र थारपाचो निर्णय सराकरान घेतला

आज राष्ट्रीय प्रसारण दिस.

.. लोकमान्य बाळ गंगाधर टिळक आणि चंद्रशेखर आझाद हांच्या आज जयंतीनिमित्त देश श्रद्धांजली ओपतां

रश्मी 140

rent a car परवानो दीता म्हण सांगुन पयशे लाटप्याचेर सरकार खर कारवाय करतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगला.येरादारी खात्यान rent a car परवाने दीवपाचे बंद केला अशेय ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा. rent a car वेवसायीकांकडे तांची parking वेवस्था नासता ते भौशीक सुवातीत पार्कींग करतात, हे शिवाय कांय rent a car वाले खासगी गाडयो लेगीत बेकायदेशीरपणान भाड्याक दीता अशे सरकाराच्या नदरेक आयला.वेवसायिक परवानो
घेनासतना अशो गाडयो चलतात, हाका लागुन सरकाराचो महसुल बुडटा अशेय मुखेलमंत्र्यान म्हणला. Byte Cm रेंट अ कार
एका खासगी कंपनीन rent a car ची परमीटा घेंवन दीता म्हण सांगुन अश्यो कार सेवा दीवपाक इत्सुक आशील्ल्या कडल्यान पयशे लाटल्यात अशे आमदार विजय सरदेसाय हांणी सभाघराच्या नदरेक शुन्य वराक हाडुन दील्ले.ह्या प्रकरणाचो सोद घेवन सरकारान हो प्रस्न सुटावो करचो अशी मागणी ह्यावेळार विजय सरदेसाय हांणी केली

रश्मी 170

गोंयच्या दर्यात  येवन बेकायदेशीरपणान नुस्तेमारी करपी  शेजारच्या राज्यातल्या नुस्तेमाराआड  कारवाय करपाक नुस्तेमार खाते अपयेशी थारला असो आरोप  आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड  लोरेन्स हांणी आयज  विधानसभेत केलो. नुस्तेमार  खाते हे विंशी किते  कारवाय करता, आजुनमेरेन अशे करपी कितल्या जाणाचेर नुस्तेमार खात्यान कारवाय केल्या काय असो प्रस्न तांणी ह्यावेळार  नुस्तेमार खात्याचे मंत्री   निळकंठ   हळर्णकार   हांका   केल्लो. ह्यावेळार महाराश्ट्र तशेच  कर्नाटक राज्यातल्यान बुल ट्रोलिंगा वरवी गोंयच्या दर्याच्या ह्ददीत  येंवन नुस्तेमारी जाता हे मुस्तेनार खात्याचे मंत्री  निळकंठ हळर्णकार हांणी मान्य केले.  आनी सुमार  १७-१८ जाणाचर  कारवाय केल्या  अशी  जाप तांणी ह्यावेळार दिली.  सध्य ड्रोन यंत्रणेवरवी गोंयच्य दर्यात  येवन बेकयादेशीरपणान नुस्तेमारी करप्याचेर  नुस्तेमार खात्यान पाळत  दवरुन फुडली कारवाय केल्याची म्हायती मंत्री हळर्णकार हांणी दिली.  नुस्तेमार खात्याची गस्ती बोट आनी हेर राज्यातल्यान  गोंयच्या दर्यादेगेच्या ह्ददीत येंवन बेकायेदशीरपणान नुस्तेमारी करप्यांमदी बरेपणा  आसा  ताका  लागुन  अशी  बेकायेदशीरपणा  करपी नुसतेमारांचेंर  कारवाय जायना.  हाका लागुन गोंयातं  नुस्त्याची आवक  कमी जाल्या . गोंयकारंक  नुसते मेळना. गोंयचे नुस्ते हेर राज्यांनी  चलले.  तशेच  गोंयांत  नुसते  लेगीत  बरेच म्हारग  जाला  अशें सभाघराच्या नदरेक  हुडुन दिले. सरकार हे  विंशी गंभीरतायने  लक्ष  घालुन  कडक  पावला  उबारची  अशी  मागणी ह्यावेळार  आमदार  आलेक्स रजिनाल्ड  लोरेन्स, हांणी केली

रश्मी 240

गोवा क्रिकेट संघटनेन फाटल्या सात वर्सा पयली मैदान बांधपाक खातीर जमिन संपादन केल्ली. मात आजुनुय थंय संबंधित मैदान जावूंक ना. हे मैदान जीसीए बांदपाक तयार आसा काय ना काय असो प्रस्न पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांका अधिवेशनाच्या प्रस्नोत्तराच्या वराक विचारलो. पेडण्या हे मैदान येवप महत्वाचे अशे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी ह्यावेळार म्हणले .ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान हे विशी जीसीएक पोरु मे म्हयन्यात मैदान ना बंधपाची कारणा दाखयात नोटीस काडील्ली. मात जीसीएन ह्या नोटीसीच्या पत्रवेव्हाराक समाधानकारक जाप दिवंक ना, तशेंच जीसीएचो एकंदर कारभार पळयत जाल्यार तांका है मैदान बांधपाची इत्सा ना कशे दिसता. पेडण्या संपादित केल्या जमनीर जर है मैदान जीसीएक बांधपाचे ना जाल्यार जीसीएक दुसरे कडेन ताच्या मालकीच्या सुवातीर हे मैदान बांधचे, ना जाल्यार सरकारान संबंधित मैदान बांधपाक दुसर्‍याक सुवात दिवपाचो विचार करतले अशी जाप मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार आमदार प्रवीण आर्लेकार हांका दिले. १ लाख ८९ हजार ९३० चौखण मीटर जागा संबंधित मैदान बांधपाक सरकारान जीसीएक दिली

गोंयात सध्या १५३ खेळांची मैदाना आसाता, हांतुतली काय मैदानापैकी लागी -लागी फकत १० खेळा मैदानाचो बरो उपेग जाता. जाल्यार उरील्ली मैदाना उपयोगा विणे तशीच पडुन आसात. ह्या फुडे अशी मैदाना प्रत्येक एका खेळा खातीर खासा नेमुन थंय खेळगड्याक प्रशिक्षण तशेच सराव करापक मेळची म्हण खेळा खाते काम करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार दिल्या.

# ब्रेक

रश्मी 220

गोंय मनीसबळ उदरगत महामंडळावरीवी सुरक्षा रक्षक म्हण काम करपी कर्मचाऱ्यांचे पगारातल्यान १८ टक्के जी.एस.टी कापतात, ताका लागुन ह्या कर्मचाऱ्यांक खुबुच उणो पगार मेळटा. सराकारान ही कपात बंद करची अशी मागणी आमदार युरी आलेमाव हांणी शुन्य वराक केली . हो विशय सध्या विचाराधीन आसा, हो प्रस्न सुटावो करपाक यत्न करता अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार दिले.byteयुरी

इतले मजगती उल्हस तुयेकार हांणी होम गार्ड सेवा दिवपी मनशांक निवृती वेतन, तशेंच बाळटेरपणाची सुटी दिवपाची तजवीज सरकारान करची अशी मागणी केल्ली. सेवा दितना तांका मरण आयले जाल्यार होम गार्डांक फकत १० हजार रुपयाची अर्थिक मजत सरकारा कडल्यान मेळटा हो निधी वाडोवची अशीय मागणी तांणी शुन्य वराक केल्ली. Byte उल्हास

हाचेर मुखेलमंत्र्यान होम गार्ड ही स्वंयसेवी सेवा आशिल्लयान तांका ह्यो सुविधा दिवप शक्य ना, मात १५ वर्साची सेवा दिल्या उपरांत थेट पुलिशेच्या नोकरीक हे उमेदावार पात्र थारपाचो निर्णय सराकरान घेतला. सेवा दितना मरण आयल्यार अर्थिक मजती वरवी दितात त्या निधीत वाढ करपाचे आस्वासन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दिले.

वास्कोचे आमदार कृश्णा साळकार हांणी लोकमान्य टीळक जंयती दिसा वास्कोच्या टीळक मैदानाक केशव बाळ गंगाधर टीळक मैदान अशे नाव दिवचे अशी मागणी केली

byte सालकर

साळकार हांची ही मागणी मुखेलमंत्र्यान मान्य केल्या. सांत आंद्रे मतदारसंघातली बरीचशी शेता पेड्यार जाल्यात. तातुंन इ- कोलाय बेक्टेरीया जाल्यात, शेता रोवपाक मेळनात, ताका लागुन संबंधित शेताकरांक लुकसाण भरपाय दिवची, तशेच पंचायत आनी भलायकी खात्यान ह्या शेतांनी जाल्या प्रदुशणाची पळोवणी करची अशी मागणी आमदार विरेश बोरकार हांणी ह्यावेळार केला.

GANESH 90

संजीवनी साकार कारखान्यात इथेनॉल प्रकल्प सुरू करपा खातीरची निविदा महिन्याभरात जारी जातली. तशेच घरां वाटावपा खातीर सर्वेचेर आशिल्ली घरा कायदेशीर आसात अशे प्रमापणत्र येणावळ खातें दितले, सरकारान रेवेन्यू सरप्लस बजेट सादर केलां. रिण घेवपाची मर्यादा ४५०० कोटींची आसून फकत १०५० कोटी इतलेच रिण सरकारान घेतला. डम्प मालाची पावणी जावपासयत आणीक ४ खण ब्लॉकांची पावणी बेगीनूच जातली. रस्ताद सुणी तशेच रस्ताद गोरवांच्या पुनर्वसना खातीर सरकार बेगीनूच नवी येवजण सुरू करतलो. सगळ्या शाळांची दुरूस्ती येत्या वर्सात जातली. म्हाविद्यालयानी नोकरे खातीर प्लेसमेंट दिवपाची वेवस्था सुरू जाल्या, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

NSD 70

आज राष्ट्रीय प्रसारण दिस. १९२७ वर्सा ह्याच दिसा, भारतीय प्रसारण कंपनीच्या अंतर्गत मुंबई स्टेशनावेल्यान देशातले पयले रेडिओ प्रसारण सुरू जाले. ८ जून १९३६ क, भारतीय राज्य प्रसारण सेवा ही ऑल इंडिया रेडिओ (एआयआर) त बदलली. स्वातंत्र्यलढ्या वेळार रेडिओ हे एक शक्तिशाली साधन आशिल्ले. १९५६ त, राष्ट्रीय प्रसारका खातीर आकाशवाणी हे नाव स्वीकारले. आकाशवाणी बहुजन हिताय, बहुजन सुखाय या आपल्या ब्रीदवाक्या प्रमाण खऱ्या अर्थान जनसामान्यांक माह्तिी दिवप, शिक्षित करप आणि त्यांचे मनरिजवण करपाचे काम करता

सुभाष ३ ०

एक पेड मां के नाम कार्यावळीखाला राज्यातल्या सगळ्या माध्यमिक शाळांनी नेटान वावर जावचो म्हूण गोवा समग्र शिक्षा अभियानान शिक्षकांखातीर प्रशिक्षण कार्यावळ आयोजित केल्या. ३० जुलै सावन ही प्रशिक्षण कार्यावळ तालुक्या पांवड्यार सुरू जातली.

NSD २०

आज पुराय देशा वांगडा  प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी लोकमान्य टिळकांक आणि  चंद्रशेखर आझाद हांच्या जयंतीनिमित्त श्रद्धांजली ओपली.

स्पोर्ट्स 25

आणिक एका मोसमात FC गोवाचे प्रतिनिधित्व करपाक स्पेनिश आघाडीपटू इकेर ग्वारोन्चेना सज्ज जाला. क्लबान ताचेकडे २०२५-२६ वर्सा खातीर कबलात केल्या.

IMD 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान **28.** 5 डग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर  कमान 23.4  डग्री सेल्सिअस नोंद जाला.